## राष्ट्रीय कृमी निर्मूलन दीस

## भुरग्यांक आल्बेन्डाजोल गुळी दितले

ता. 8 ऑक्टोबर 2021

12 ऑक्टोबर 2021 दिसा गोंयभर राष्ट्रीय कृमी निर्मूलन दीस पाळपात येतलो. कृमी निर्मूलन दिसानिमतान भुरग्यांक आल्बेन्डाजोल गुळी दिवपात येतली. ह्या वर्सा कोवीड म्हामारीची परिस्थिती आशिल्ल्यान भुरग्यांक आल्बेन्डाजोल गुळी दिवपाचो कार्यक्रम एक सप्तकभर चलतलो. 1 ते 19 वर्सां पिरायेच्या सगळ्यां भुरग्यांक आल्बेन्डाजोल 400 मीलीग्राम ही कृमीनाशक गुळी दितले. हो कार्यक्रम यशस्वी करपा खातीर सगळें पालक, शिक्षक आनी अंगणवाडी कर्मचाऱ्यांनी पुराय सहकार्य दिवपाची विनंती भलायकी सेवा संचालनालयाच्या राज्य कुटुंब कल्याण मंडळान केल्या.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/837

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji